AKASHWANI PANAJI NATIONAL NEWS 8.40 AM 28TH MAY 2026

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी स्वच्छ भारत मिशन 2.0 ची प्रभावी अंमलबजावणी करपाचा गरजेचेर भर दिला.

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या खाशेल्या उपक्रमाचेर युनेस्कोच्या संवसारीक दायज स्थळ सांची स्तूपांतले पवित्र अवशेश मंगोलियाक व्हेल्यात.

* केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज गुजराताचा भेटीर आस्तले

* युरोपीय संघटनेच्या विदेश वेव्हार मंत्र्यांच्या अनौपचारीक बसकेंत वांटो घेवपा खातीर विदेश वेव्हार मंत्री DR S जयशंकर सायप्रसांत पावले

PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी स्वच्छ भारत मिशन 2.0 ची प्रभावी अंमलबजावणी करपाचा गरजेचेर भर दिला आनी मुळावी बांदावळ तयार करून नेमान देखरेख, नागरिकांचो सहभाग आनी वेगवेगळ्या भागधारकां मदीं एकठांय येवपाक परिणाम सुनिश्चीत करपाक जाय अशें तांणी सांगला . नवी दिल्लींत जाल्ले 51वे प्रगति बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळून प्रधानमंत्री मोदी हांणी राज्यांक कोयर प्रक्रिया प्रकल्प आनी गोबरधन प्लांट सयत घन कोयर वेवस्थापन संबंदीत मुळावी बांदावळ बेगीन पुराय करपाक आवाहन केला . हे बसकेंत प्रधानमंत्र्यानि रेल्वे, वीज आनी रस्तो क्षेत्रांतल्या सात गंभीर मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांचो नियाळ घेतलो, जातूंत सुमार 30 हजार कोटी रुपया मोलाच्या णव राज्यांचो आस्पाव आशिल्लो

EID

बकरीद म्हळ्यार ईद-उल-आझा आयज देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी धर्मीक उमेदीन मनयतात. सकाळीं सावन हजारांनी मुस्लिम भक्त मशिदींनी जमून खाशेली नमाज करता. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी ईद-उल-आझा च्या निमतान लोकांकपरबी दिल्यात . हो उत्सव भक्ती, त्याग आनी निस्वार्थीपणाचे प्रतीक आसा अशें राष्ट्रपतींनी

आपल्या संदेशांत सांगलें. तशेंच ह्या महोत्सवांतल्यान नागरिकांक मनीसपणाची सेवा करपाचीय प्रेरणा मेळटा. समाजांत मोग वाडोवपाचो संकल्प घटमूट करचो अशें ताणी नागरिकांक आवाहन केले .उत्सव शांततायेन जावचे आनी कायदो आनी सुवेवस्था तिगोवन दवरची हे खातीर अधिकार्यांनी जायत्या शारांनी सुरक्षेची विस्तारान वेवस्था केल्या. दिल्लीत पुलिसांनी ह्या निमतान जामा मशिदी वाठारा भोंवतणी व्हड सुरक्षा तैनात केल्या.

VAISHNAV

केंद्रीय मंत्रीमंडळान भौशीक वितरण वेवस्थे खाला राशन, येरादारी आनी वेवस्थापन सहाय्य येवजण चालू दवरपाक मान्यताय दिल्या. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें,. Byte

MONGOLIA

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या खाशेल्या उपक्रमाचेर युनेस्कोच्या संवसारीक दायज स्थळ सांची स्तूपांतले पवित्र अवशेश मंगोलियाक धाडटात. हे अवशेश भगवान बुध्दाच्या दोन नामनेच्या शिश्यांचे आसात.आयज तांकां भोपाळाच्या राजा भोज विमानतळा वयल्यान पुराय राज्य सन्मानान दिल्लीक व्हरतले. फाल्यां हे अवशेश नवी दिल्लीच्या राष्ट्रीय संग्रहालयांत भौशीक प्रदर्शना खातीर दवरतले. ते उपरांत 30 मे दिसा भारतीय वायुसेनेचें खाशेलें विमानान तांकां मंगोलियाक व्हरतलें. 31 मे सावन हे अवशेश मंगोलियाचे राजधानी उलानबातारांत लोकांच्या प्रदर्शना खातीर दवरतले. धा लाखां परस चड भक्त आनी पर्यटक जमतले . ह्या उपक्रमाक लागून भारत आनी मंगोलिया हांचे मदले सांस्कृतीक आनी आध्यात्मिक संबंद आनीक घटमूट जातले.

CCEA

अर्थीक वेव्हार मंत्रीमंडळ समितीन (सीसीईए) रेशन येरादारी, विक्रेत्यांक आदार आनी तंत्रज्ञान सुदारणा सयत भौशीक वितरण प्रणाली आधुनीक करपाची येवजण मार्च 2031 मेरेन चालू दवरपाक मान्यताय दिल्या. म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना मंत्रीमंडळाच्या ह्या निर्णया संबंदी ही घोशणा केल्या.

SHIVRAJ

केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान आयज नवी दिल्लींत खरीफ मोहिमेक 2026 खातीर शेतकी राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण करतले. दोन दिसांच्या कार्यावळीचो हेतू फुडल्या खरीफ हंगामा खातीर रणनितीचेर विचार करपाचो आसा आनी तातूंत शाश्वत  शेती, वाडिल्ली उत्पादकता, हवामानांत लवचीकता, मुळावी बांदावळ घटमूट करप आनी शेतकार समृध्दीचेर लक्ष केंद्रीत केलां.

SHAH

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज गुजराताचा भेटीर असतले. ह्या भेटी वेळार ते अहमदाबाद आनी गांधीनगर जिल्ह्यांतल्या  भौशीक उपयुक्तताय, शिक्षण, आनी ग्रामीण मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांचें उक्तावण आनी बुन्याद घाल्तले

JAISHANKAR

युरोपीय संघटनेच्या विदेश वेव्हार  मंत्र्यांच्या अनौपचारीक बसकेंत वांटो घेवपा खातीर विदेश वेव्हार  मंत्री DR S जयशंकर सायप्रसांत पावले . सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मंत्री जयशंकर हानी  युरोपीय आयोगाचे उपाध्यक्ष काजा कल्लास आनी सायप्रसाचे विदेश वेव्हार  मंत्री DR Constan/tinos Kombos हांचा  ह्या आमंत्रणा खातीर उपकार मानले.

MUSLIM ACT

बायलां खातीर राष्ट्रीय आयोगान भारतांतल्या मुसलमान बायलांच्या हक्कां विशीं एक व्यापक शिफारस अहवाल गृह मंत्रालय, बायलां आनी भुरग्यांच्या विकास मंत्रालय, आनी अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्रालयाक सादर केला. देशांतल्या मुसलमान बायलांचे कायदेशीर, समाजीक आनी घटनात्मक हक्क घटमूट करपाचो हेतू आशिल्ल्या राष्ट्रीय पांवड्यावेल्या सल्ला/मसलती उपरांत हें सादरीकरण केलां.घटनात्मक सुरक्षा आनी हालींच्या कायदेशीर सुदारणांक लागून बायलांचो हक्क मुखार व्हरपाक म्हत्वाचें योगदान मेळ्ळां, पूण कायदेशीर जागृताय घटमूट करपाची व्याप्ती आसा अशें आयोगान सांगला .

GOYAL

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी आपल्या कॅनडियन समकक्ष मनिंदर सिध्दू हांचे वांगडा 'कॅनडा-भारत गुंतवणूक Roundtable'चे सह-अध्यक्षपण केलें. कॅनडाच्या मुखेल पेन्शन फंडां कडेन, सार्वभौम आनी संस्थांनी गुंतवणूक करपी, कॅनडा-इंडिया बिझनेस काउन्सिलाचे वांगडी आनी हेर भागधारकां कडेन व्हड प्रमाणांत चर्चा केल्या अशें मंत्री गोयलान सांगलें. दोनूय देशां खातीर शाश्वत वाड आनी समृध्दीक आदार दिवपा खातीर अर्थीक बाजारांत सहकार्य घटमूट करपाचे मार्गांचा विषयी मंत्री गोयलान चर्चा केली. BYTE

AMIT SHAH

गृहमंत्री अमित शाहा हानी आयज स्वातंत्रवीर विनायक दामोदर सावरकर हांच्या जयंती दिसा तांका आर्गा ओपली . स्वातंत्र्य संघर्शाचो निर्भय झुजारी वीर सावरकर हानि आपलें पुराय जिवीत मातृभूमिचे सेवे खातीर ओंपलें. , वीर सावरकराच्या जिवितांतल्यान राष्ट्र भक्तीचे महत्व आमका खऱ्या अर्थान समजू येता . वीर सावरकारानि अस्पृश्यता सारकिल्या समाजीक वायटांक खर विरोध केलो आनी देशांतल्या लोकांक एकठांय हाडले. ताचें जिवीता वरवी लोकांक मार्गदर्शन मेळटले अशी अस्त तांणी उक्तायली

EBOLA

काँगोंतल्या इबोला प्रकोपाचेर आळाबंदा हाडपाच्या यत्नांक आदार दिवपा खातीर भारतान आपत्कालीन वखदां पुरवण धाडल्या अशें आफ्रिका सेंटर फॉर डिजीज कंट्रोल अँड प्रिवेंशन (सीडीसी) हांणी सांगलें. इथिओपियाचें मुखेल कार्यालय आशिल्ल्या आफ्रिका सीडीसीन सोशल मिडिया पोस्टांत भारतान केल्ली मजत युगांडाक ताच्या उदेंत आफ्रिका प्रादेशिक समन्वय केंद्राक मेळ्ळया अशें सांगलां.

एक कलोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी ‘खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. अर्ज करपाची निमणी तारीख १ जुन आसा.

IMD

भारतीय हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या दोन दिसांत मध्य आनी वायव्य भारतात उश्णतायेच्या ल्हारांची परिस्थिती चालू उरतली अशे सांगलां. उदेंत मध्य प्रदेश आनी विदर्भात आयज RED अलर्ट जारी केला .

SPORTS

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं न्यू चंडीगढांत जाल्ले एलिमिनेटर मॅचींत राजस्थान रॉयल्सान सनरायझर्स हैदराबाडाक 47 धांवड्यांनी हारयलो.

PARTUN EK FAVT AYCHO MUKHEL KHABRO

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी स्वच्छ भारत मिशन 2.0 ची प्रभावी अंमलबजावणी करपाचा गरजेचेर भर दिला.

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या खाशेल्या उपक्रमाचेर युनेस्कोच्या संवसारीक दायज स्थळ सांची स्तूपांतले पवित्र अवशेश मंगोलियाक व्हेल्यात.

* केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज गुजराताचा भेटीर आस्तले

* युरोपीय संघटनेच्या विदेश वेव्हार मंत्र्यांच्या अनौपचारीक बसकेंत वांटो घेवपा खातीर विदेश वेव्हार मंत्री DR S जयशंकर सायप्रसांत पावले

--------------